३१.१२.२०२५ @ ८.४०

**डॉ जितेंद्र सिंग**

कार्मिक, भौशीक कागाळी आनी पेन्शन राज्य मंत्री डॉ जितेंद्र सिंगान 2025 वर्स शासन सुदारणां खातीर समर्पित केलें, जाचो हेतू जिणेंत सोयी आनी काम करपाक सोंपें असो आशिल्लो.आयज नवी दिल्लींत वर्साच्या शेवटाक पत्रकार परिशदेंत उलयतना मंत्री हांणी सांगलें, जिणेची सोय मेळोवपा खातीर सेवा दिवपाक जापसालदार आशिल्ल्यांकय काम करपाची सोय दिवची पडटली.रोजगर मेला आनी केंद्रीकृत भौशीक तक्रार निवारण आनी देखरेख प्रणाली सयत खात्याच्या मुखेल उपक्रमांचेर आनी मार्गदर्शक तत्वांचेर मंत्रीन भर दिलो.ह्य संदर्भार कार्मिक आनी प्रशिक्षण खात्याचे सचीव रचना शाहान 2025 वर्सा तीन राष्ट्रीय रोजगर मेला आयोजीत केल्ले, ह्या वेळार वेगवेगळ्या मंत्रालयांनी आनी खात्यांनी सुमार देड लाख नेमणुकेचीं पत्रां जारी केल्लीं अशी म्हायती दिली. Byte

**मनरेगा**

सद्याच्यो गरजो मतींत दवरून आनी आदल्या मनरेगा येवजणेच्यो उणाव पयस करपा खातीर संसदेन विक्षित भारत - रोजगर आनी अजीविका मिशनाची हमी (ग्रामीन): विक्षित भारत - जी राम जी विधेयक संमत केलां अशें कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी आयज सांगलें. आयज भोपाळांत पत्रकार परिशदेंत ते मिडियाक संबोधीत करताले.येवजणेचें नांव बदलपाच्या विरोधकांनी केल्ल्या आरोपाचेर मंत्री म्हणटा, आदल्या काळांत लेगीत विरोधी पक्ष सत्तेर आसतना रोजगार संबंदीत येवजण्यांचीं नांवां जायते फावट बदलताले.श्री चौहान हांणी सांगलें, विक्षित भारत - गॅरंटी फॉर रोजगर आनी अजीविका मिशन (ग्रामीन) हें चड प्रभावी करपा खातीर प्रधानमंत्रीच्या गति शक्तीच्या उपक्रमाक जोडलां. बेकारी भत्तो

दिवपाची स्पश्ट तरतूद ह्या मिशनांत आसा, आनी कायद्या खाला गरजेची अर्थीक वेवस्था सुनिश्चीत केल्या अशें तांणी सांगलें. Byte

राधाकृष्णन 90

काशी आनी तमिळनाडू हांचे मदले संबंद फकत इतिहासीक न्हय, तर हजारांनी वर्सां भारताक एकठांय बांदून दवरपी खोलायेन संस्कृताय आनी आध्यात्मिक सातत्य आसा अशें उपराष्ट्रपती सी.पी.राधाकृष्णन हांणी सांगलें. अशे तरेचे आदान-प्रदान भारताच्या  सामायिक दायजाची परत पुष्टी करता आनी राश्ट्रीय एकचाराची भावना घटमूट करता अशें तांणी नदरेक हाडलें. रामेश्वरांत जाल्ल्या काशी तमिळ संगम 4.0 च्या निरोप कार्यावळींत ते उलयताले. महाकवी सुब्रमण्यम भारती हाचो उल्लेख करून तानी म्हणलें,की काशी तमिळ संगम हें कवीच्या एकवटीत, संघटित आनी आत्मविस्वास पूर्ण  भारताच्या दृश्टीकोनाचें प्रतिबिंब आसा. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या दृश्टीकोन आनी केंद्रीत यत्नांक लागून भारतीचें सपन आयज साकार जावपाक लागलां अशें तांणी सांगलें.

पीएम-युवा 80

प्रधानमंत्री युवा लेखक मार्गदर्शन येवजणे खाला (पीएम-युवा 3.0) आयोजीत केल्ले सर्तीचे निकाल शिक्षण मंत्रालयान जाहीर केल्यात. हे आवृत्ती खाला 22 भारतीय भाशांनी आनी इंग्लीश भाशेंतल्या 43 पुस्तक प्रस्तावांची निवड केल्या. वेंचून काडिल्ल्या पुस्तक प्रस्तावांचें स म्हयन्यां खातीर नामनेच्या विद्वानांच्या मार्गदर्शना खाला पुस्तकांत रुपांतर करतले अशी म्हायती शिक्षण मंत्रालयान दिल्या. तशेंच दरेका वेंचून काडिल्ल्या लेखकाक म्हयन्याक पन्नास हजार रुपया शिश्यवृत्ती मेळटली आनी तांच्या प्रकाशीत पुस्तकाचेर 10 टक्के

आजीवन रॉयल्टी मेळटली अशें मंत्रालयान सांगलें. पीएम-युवा 3.0 खाला पुस्तकांचो पयलो संच फुडल्या वर्सा प्रकाशित जातलो

‘पाथजीनी’ 40

वखदां सोदपाची प्रक्रियेक गती दिवपा खातीर विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंत्रालयान ‘पाथजीनी’ नांवाचें नवें मुक्त स्त्रोत सॉफ्टवेअर तयार केलां. प्रमाणित पद्दतींत सामान्यतः वापरिल्लीं कृत्रीम विकृती विणे , संभाव्य वखदां तांच्या प्रथिन लक्ष्यांपासून कशी वेगळी जातलीं हाचो अदमास ह्या मुक्त स्त्रोत सॉफ्टवेअर करतले अशी मंत्रालयान म्हायती दिल्या.

लश्कर 100

भारतीय लश्करान 2025 वर्सा म्हत्वाची प्रगती नोंद करून कार्यकारी रोजगार क्षमताय आनी प्रतिबंधकतेतले मुखेल मार्गदर्शक तत्वांचेर भर दिलो. पहलगाम आतंकवादी हल्ल्या उपरांत मे 2025 वर्सा ऑपरेशन सिंदूर सुरू जालें आनी तातूंत णव आतंकवादी **तळ उद्ध्वस्त** जाले आनी शिमे पलत्डीची सात तळ निश्क्रीय केले. हे हल्ले अचूक, मापांकीत आनी वेळाचे बंधन पाळून आशिल्ले. तशेंच नियंत्रण रेशेचेर एक डझना परस चड आतंकवादी लाँच पॅडय नश्ट केल्यात. तशेंच ब्राह्मोस आनी पिनाक युनिटन लढाऊ क्षेपणास्त्र प्रक्षेपण केले आणि पिनाकाची यशस्वी चाचणी घेतली. भारतीय सैन्यान वापरिल्ल्या सगळ्या दारुगुळोंतलो ९१ टक्के दारुगुळो देशी आसा. तशेंच तातूंत ड्रोन, सुमार ३००० रिमोट पायलट विमानां, सुमार १५० टेथर्ड ड्रोन आणि स्वॉर्म ड्रोन अशा वेगवेगळ्या मानवरहित विमान प्रणालींचो आस्पाव आशिल्लो.

जयशंकर 35

परराष्ट्र व्यवहार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर बांगलादेशची आदली प्रधानमंत्री आणि बांगलादेश नॅशनलिस्ट पार्टीची अध्यक्ष बेगम खालिदा झिया हाच्या अंत्यसंस्कारांक उपस्थित राव्पाक आज ढाकाक भेट दितले.बेगम खालिदा जिया हांच्या निमाण्या संस्कारांत डॉ जयशंकर भारत सरकार आनी लोकांचें प्रतिनिधित्व करतले.

रेल 65

आगामी वंदे भारत स्लीपर ट्रेनाची काल रेल्वे सुरक्षा आयुक्तान चांचणी केल्या अशें रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हानी सांगलां. हे चांचणेचो व्हिडियो शेअर करतना वैष्णव हानी सोशल मिडियाचेर पोस्ट करून सांगलां की ही चांचणी कोटा-नागदा विभागांत केल्ली, जंय ही गाडी 180 किमी. वराक चलली. हे वेगान लेगीत गाडये भितर दवरिल्ले उदकाचे आयदन मातूय हालनाशिल्ले. हे नवे पिळगेचे गाडयेचीं तंत्रीक खाशेलपणां हे उदकाचे चांचणेंतल्यान सिध्द जाली अशें वैष्णव हांणी सांगलें

सिक्किमांत केंद्रीय अल्पसंख्यांक वेव्हार, नुस्तेमारी, पशुपालन आनी दुदाचे राज्य मंत्री जॉर्ज कुरियन हांणी काल सांजवेळार सोरेंग जिल्ह्यांत चालू आशिल्ल्या उदरगतीच्या कामांची प्रगती पळोवपा खातीर एक पुनरावलोकन बसका घेतली. डीसी सोरेंग , धीरज सुबेदी हांणी जिल्ह्याच्या उदरगतीचे स्थितीची आनी चालू आशिल्ल्या उपक्रमांची व्यापक नियाळ मंत्र्या मुखार मांडलो. सादरीकरणा वेळार डीसीन जिल्ह्यांत चालीक लायिल्ल्या वेगवेगळ्या प्रकल्पांची प्रगती उक्तायली आनी आकांक्षी जिल्लो कार्यावळ (एडीपी) आनी आकांक्षी ब्लॉक कार्यावळ (एबीपी) खाला मुखेल कामगिरी निर्देशकां विशीं मंत्रीक म्हायती दिली.

पाटील 130

केंद्रीय जल शक्ति मंत्री सी.आर.पाटील हांणी काल राष्ट्रीय भूंयगत उदकाच्या मुल्यांकन 2024 प्रमाण 124 चड शोशण केल्ल्या आनी गंभीर भूंयगत उदकाच्या जिल्ह्यांतल्या प्रगतीचो नियाळ घेतलो.फुडल्या वर्सा 31 मे मेरेन एक कोटी कृत्रीम रिचार्ज आनी साठवण संरचना तयार करपाचो हेतू आशिल्ल्या ‘जल संचय जन संपदी 2.0’ खाला जाल्ले प्रगतीचेर ह्या नियाळांत भर दिला अशें जल शक्ति मंत्रालयान सांगलें. दीर्घकाळ उदकाची सुरक्षीतताय आनी संसाधनांची टिकावूपण घटमूट करपा खातीर ताण आशिल्ल्या जिल्ह्यांनी उदक संवर्धनाचे यत्न गती दिवपाचेरूय बसकेंत भर दिलो. तशेंच शास्त्रीय कार्यक्षमताय नकाशे वापरप, केंद्रीय भूंयगत उदका मंडळाचो तंत्रीक आदार आनी बेगीन अंमलबजावणी करपा खातीर वेगवेगळ्या येवजण्यांचो समन्वय करपा विशीं जिल्ह्यांक मार्गदर्शन केलें.

Imd 90

भारतीय हवामान खात्यान बिहारात थंड दिसाची परिस्थिती उक्तायल्या . उदेंत उत्तर प्रदेश आनी हिमाचल प्रदेशांतय अशीच परिस्थिती आसतली. हवामान खात्यातल्यान ईशान्य राज्यां, अस्तंत बंगाल आनी उत्तराखंडात दाट धुकें पडटलें असो अदमास उक्तायला